## सरकार मानवी विकास आनी साधनसुविधांच्या विकासाच्या मळार काम करता- मुख्यमंत्री

ता. 11 नोव्हेंबर 2021

सरकार मानवी विकास आनी साधनसुविधांचो विकास ह्या दोन मुखेल उद्दीश्टांचेर काम करता. समाज कल्याण येवजणांच्या अंमलबजावणी वरवीं सामान्य लोकांमेरेन पावपाक सरकाराक यश आयिल्ले आसा. तशेंच साधनसुविधांच्या मळार सरकारी इमारत प्रकल्प, सभाघरां, रस्ते, पूल आनी हेर प्रकल्प पुर्ण करून लोकांक बऱ्यो सुविधां उपलब्ध केल्यात, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल नेवरा पंचायत घराच्या नूतनीकरण कामाची सुरूवात केले उपरांत उलयताना सांगलें.

दीनदयाळ पंचायत राज साधनसुविधा विकास येवजणेखाला नेवरा पंचायत सभाघराच्या नूतनीकरणाचे काम हातांत घेतला.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान साधनसुविधांच्या विकासाच्या बाबतीत सरकार खंयच कमी पडिल्ले नात, अशें सांगून केल्ली विकास कामां ताचो पुरावो आशिल्ल्याचे म्हणलें. तांत्रिक कारणांखातीर खंयचोय प्रकल्प फाटी उरिल्लो आसत जाल्यार तांचेर बेगीनात बेगीन उपाय काडून तो पुर्ण करपात येतलो, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. म्हामार्गाचे चालू आशिल्ले काम बेगीनात बेगीन पुर्ण करून लोकांक आनी प्रवासी वर्गाक थाकाय दिवपाचो सरकाराचो प्रयत्न आसा, अशेंय तांणी म्हणलें.

आमदार आनी उत्तर गोंय पीडीए चे अध्यक्ष श्री. फ्रान्सिस सिल्वेरा हांणी सांन्तआंद्रे मतदारसंघाच्या विकासा खातीर सहकार्य केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यांचे उपकार मानले आनी नवीन उदका टाकी, खेळा मैदान आनी हेर विकासकामां पुराय जाले उपरांत मतदारसंघातल्यो समस्यां सुटाव्यो जातल्यो, अशें सांगलें.

सांन्तआंद्रे मतदारसंघाच्या भेटीत मुख्यमंत्र्यान मसणभुंयेची सुदारणा, आगशी चर्चीकडेन पार्किंग सुविधा, शिरदोण पंचायत घराचे बांदकाम, खेळा मैदान अशां कामांची सुरूवात केली.

ह्या वेळार जिल्हो पंचायत वांगडी श्री. धाकू मडकईकर, आगशीचे सरपंच झेवियर ग्रासियस, कुडकाचे सरपंच श्रीमती वेरोदिना फर्नांडिस, आजोशी-मंडूरचे सरपंच अजित बकाल, शिरदोणचे सरपंच श्रीमती नुतन शिरोडकर, हेर पंच वांगडी उपस्थित आशिल्ले.

संदेश नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. सरपंच श्रीमती उषा नाईक हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/937

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji